# जलमार्गांचो विकास काळाची गरज - श्री. गडकरी

ता.20 मार्च 2018

29 फाल्गुन 1939

केंद्र सरकार सागरमाला येवजणेखाला येणा-या वर्सात अकरा मुखेल न्हंयो जोडपाचे आनी साठ नवी बंदार बांदपाचे काम करतले, अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी, महामार्ग आनी शिपींगमंत्री श्री. नितीन गडकरी हांणी आयज बायणा वास्को हांगा इनलॅण्ड फेरी सर्व्हिस जेटी आनी चार पदरी व्होवरहेड रस्त्याच्या उक्तावण कार्यक्रमात उलयताना सांगले.

श्री. गडकरी हांणी फुडें सांगले, आमच्या देशाक 7500 कि.मी. ची दर्यादिग आसा आनी ह्या दर्यादिगेचो जलमार्गाखातीर विकास करपाची गरज आसा. भविष्यात जलमार्गाचो उपेग केल्ल्यान येरादारीचो खर्च उणो जातलो. जलमार्गाचो विकास केल्यान येरादारीक तशेंच पर्यटनाक प्रोत्साहन मेळटले. रस्त्यावयलो येरादारीचो ताण कमी जातलो. केंद्र सरकारान देशात जलमार्गांच्या विकासाखातीर रू. 17500 कोटींची गुंतवणूक केल्या. गोंयात विकासाची काम शक्य करपाखातीर गोंयच्या लोकांनी सकारात्मक आसपाची गरज आसा. विकास कामां करताना गोंयच्या पर्यावरणाचे जतन करपाक प्राधान्य आसतले, अशेंय तांणी सांगले.

केंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी ह्यावेळार उलयताना गोंयच्या विकासाखातीर केंद्रीय मंत्र्यांनी केल्ल्या योगदानाची प्रशंसा केली. फेरी सेवा जेटीक लागून जलमार्ग येरादारी आनी पर्यटनाक प्रोत्साहन मेळटले अशेंय तांणी सांगले.

राज्यसभा खासदार श्री. विनय तेंडुलकर, लोकसभा खासदार श्री. नरेंद्र सावईकर, पंचायतमंत्री  श्री माविन गुदिन्हो, शार उदरगत मंत्री श्री. फ्रांसिस डिसोझा, आमदार श्रीमती अलिना साल्ढाणा, एनआरआय कमीशनर श्री. मिलिंद नाईक, जीटीडीसीचे अध्यक्ष श्री. निलेश काब्राल आनी एमपीटीचे अधिकारी ह्यावेळार हजर आशिल्ले.

एमपीटीचे अध्यक्ष श्री. आय. जे. कुमार हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.